11/07/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

उपराष्ट्रपती

लोकशायेंत मतभेद आसले तरी संविधान आनी लोकहिता विशी सर्वोच्च निश्ठा आसूंक जाय अशें उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी म्हणलां. बिहार विधानसभेच्या वांगड्यांखातीर आयोजित' ओरिएंटेशन' प्रशिक्षण कार्यावळीचें उक्तावणावेळार ते उलयतले.

लोकप्रतिनिधींनी लोकशाय मुल्यां पारदर्शकता आनी लोकांप्रती जापसालदारकेक प्राधान्य दिवपाचो उलो तांणी मारलो.

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी न्यूझीलंडांतलो भारतीय समाज हो भारत-न्यूझीलंड संबंदांची घटमुट बुन्याद आसा अशें सांगलें. दोनूय देशांचे संबंद वांटून घेतिल्ल्या मुल्यांचेर, इश्टागतीचेर आनी परस्पर सहकार्याचेर आदारिल्ले आसात अशे आयज ऑकलँडांत भारतीय समुदायाक मार्गदर्शन करतना तांणी सांगलें.

ह्या वेळार न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्तोफर लक्सन हांणीय भारताक म्हत्वाचो आनी विस्वासाई भागीदार म्हळें आनी द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाचे आश्वासन दिला .

तशेच दोनूय फुडाऱ्यांनी भारत-न्यूझीलंड द्विपक्षीय संबंद धोरणात्मक भागीदारीच्या पांवड्यार व्हरपाचो निर्णय घेतला.

संरक्षण मंत्री

भारत आत्मनिर्भर आनी फुडाराखातीर तयार संरक्षण दळ उबारता अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलें. आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणमात, सवी 17ए स्वदेशी स्टेल्थ फ्रिगेट महेंद्रगिरी नौदलाच्या उदेंत ताफ्यात आस्पवित करपाच्या सुवाळ्यांत ते उलयताले.

आयएनएस महेंद्रगिरी’ भारताची दर्यावेली सुरक्षा आनी देशी संरक्षण क्षमता आनीक घटमूट करतली असो विस्वास तांणी उक्तायला.

## घर मंत्री

केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहान आयज नवी दिल्लींतल्या लोकनायक जयप्रकाश नारायण भौशीक वाचनालयाचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार ताणी तरणाट्यांनी वाचनाची संवय वाडोवची अशें आवाहन केलें. पुस्तकां आनी वाचनालय हीं व्यक्तीमत्व उदरगती खातीर आनी राष्ट्र निर्मिती खातीर प्रभावी साधनां आसात अशें तांणी म्हणला.

## रेल्वे मंत्री

हैदराबाद हें मुखेल हाय-स्पीड रेल्वे केंद्र म्हणून विकसीत करतले आनी प्रस्तावीत बुलेट ट्रेन मार्गांतल्यान पुणे, चेन्नई आनी बेंगळुरू कडेन जोडटले अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. ह्या प्रकल्पाक लागून दक्षिण भारतांत रेल्वे संपर्क घटमूट जातलो आनी प्रवास वेळ उणो जातलो अशें तांणी मुखार सांगलें. मजगतीं, तेलंगणांतल्या 42 रेल्वे स्टेशनांचें आधुनिकीकरण सुरू आसा अशी म्हायती केंद्रीय मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी दिली.

आयज संवसारीक लोकसंख्या दीस. लोकसंख्या वाडी संबंदीत आव्हानां आनी संद हांचे विशीं जागृताय करपा खातीर हो दिस मनयतात .

ऐच्छिक कुटुंब नियोजन, माहितीपूर्ण निर्णय आनी भलायकेन भरिल्ली कुटुंबां ही सर्वसमावेशी आनी टिकावू उदरगतीची घटमूट बुन्याद आसा अशें केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री jp नड्डा हांणी सांगलां. भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय दर वर्सा संवसारीक लोकसंख्या दिसा एक खाशेली मोहीम चलयता. आवय आनी भुरग्याची बरी भलायकी मेळोवपा खातीर गुरवारपणांत योग्य अंतर आनी नियोजीत पालकत्वाक उर्बा दिवप हो ह्या वर्साच्या मोहिमेचो मुखेल हेत आसा .

## खेळ

भारत आनी इंग्लंड मंदी चल्तल्या पांच t 20 खेलामाळेतलो निमाणो खेळ आयज साउथहॅम्प्टनांत भारतीय वेळाप्रमाण सांजेच्या 7 वरांचेर सुरु जातलो . मजगतीं, फिफा विश्वचषकाच्या क्वार्टर फायनलींत आयज नॉर्वे इंग्लंडा आड खेळटलो, जाल्यार फाल्यां आर्जेन्टिना स्वित्झर्लंड आड खेळटलो. स्पेन आनी फ्रांस पयलींच उपांत्य फेररेयेत पात्र थारल्यात.

## हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फुडले चार ते पांच दीस देशाच्या उत्तर आनी उदेंत वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या. मजगतीं, एल निनोच्या प्रभावाक लागून देशांत मान्सून पावस सामान्या परस उणो आसतलो असो अदमास खात्यान उक्तायला.